Panaji National 7th March 2026 8.40 am

शेतींत ‘तंत्रज्ञान संस्कृताय’ हाडपाचेर सरकार खूब भर दिता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह हाणी  काल ओडिशांत  3,770 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली.

अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाचो आयज आठवो  दिस. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष  डोनाल्ड ट्रम्प हांणी इराणा कडेन कसलीच समजिकाय करपाक न्हयकार दिलो आनी इराणाक बिनशर्त आत्मसमर्पण करपाचे आवाहन केला.

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट सवसरीक करंड  सर्तीच्या  फायनलींत फाल्यां सांजवेळा भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं खेळ जातलो.

PM webinar – 150

शेतींत ‘तंत्रज्ञान संस्कृताय’ हाडपाचेर सरकार खूब भर दिता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां.अर्थसंकल्पा उपरांतच्या "शेती आनी ग्रामीण रुपांतर" वेबिनारांत व्हिडियो कॉन्फरन्सिंग वरवीं उलयतना मोदी हांणी सांगलें, सरकार AgriStack वरवीं शेती खातीर डिजिटल भौशीक मुळावी बांदावळ विकसित करता. किसान आयडी आनी डिजिटल जमीन सर्वेक्षण हे परिवर्तनकारी पावल आशिल्ल्याचे तांणी म्हळें.

एआय आदारीत प्लॅटफॉर्म आनी डिजिटल सर्वेक्षण हांचे म्हत्व अधोरेखित करतना प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें, जेन्ना संस्था आनी उद्देजक आपल्या कार्यात तंत्रज्ञानाचे एकत्रीकरण करतात, तेन्नाच ताचे परिणाम मेळटात.

10 कोटी शेतकारांक ‘पीएम किसान सम्मान निधी’ खाला 4 लाख कोटी रुपया परस चड रक्कम मेळ्या, जाल्यार ‘पीएम फसल बीमा येवजणे’ खाला सुमार 2 लाख कोटी रुपयांचे विमा दावे निकालात काडल्यात. संस्थात्मक रिण कव्हरेज आता ७५ टक्क्यांपेक्षा चड जाल्या अशें तांणी नमूद केले.

शेती हो देशाचे अर्थवेवस्थेचो कणो आनी दीर्घकालीन विकास प्रवासाचो एक धोरणात्मक स्तंभ अशें मोदी हांणी सांगलें.

सरकारान 3 कोटी लाखपती दिदींचे लक्ष्य येसस्वीपणान साध्य केलां अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

PM Delhi – 105

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयतारा नवी दिल्लींत सुमार 33 हजार 500 कोटी रुपयांच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. मोदी सुमार 18 हजार 300 कोटी रुपयांच्या दिल्ली मेट्रो प्रकल्पांचें उक्तावण करताले आनी बुन्यादी फातर घालतले. दिल्ली मेट्रोच्या दोन नव्या कॉरिडोरांचें ते उक्तावण करतले.

प्रधानमंत्री मोदी **General Pool Residential Accommodation Redevelopment Plan (GPRA) अंतर्गत सुमारे १५ हजार २०० कोटी रुपयांच्या वेगवेगळ्या प्रकल्पांचे उक्तावण करतले आनी बुन्याद घालतले. सरोजनी नगर, नेताजी नगर, कस्तूरबा नगर आनी श्रीनिवासपुरी ह्या मुखेल सुवातींनी पातळिल्ले हे प्रकल्प GPRA वसाहतींचें आधुनिकीकरण करून सरकारी कर्मचाऱ्यां खातीर आनी प्रशासकीय कार्यालयां खातीर संवसारीक दर्ज्याची मुळावी बांदावळ तयार करपाच्या सरकाराच्या महत्वाकांक्षी कार्यावळीचो एक भाग आसात.

Shah Odisha – 60

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह हाणी काल ओडिशांत 3,770 कोटी रुपया परस चड मोलाच्या जायत्या उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली. तातूंत राश्ट्रीय दुग्ध उदरगत मंडळ, ओडिशा राज्य सहकारी दुद उत्पादक संघटनेचे उदरगतीचे उपक्रम आनी राज्य सरकाराचे वेगवेगळे प्रकल्प हांचो आस्पाव जाता. गृहमंत्र्यांनी ओडिशातल्या पारादीपात Indian Farmers Fertiliser Cooperative Limited (IFFCO) च्या परिसरात एका नव्या सल्फ्यूरिक ॲसिड प्रकल्पाचे उद्घाटन केले.

Shah – 110

ह्या म्हयन्याच्या अखेर मेरेन भारत नक्षलवादापासून मुक्त जातलो अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलें. ओडिशाच्या कटकांत केंद्रीय उद्देगीक सुरक्षा दळाच्या (CISF) 57व्या स्थापना दिसा सुवाळ्यांत ते उलयताले. सुरक्षा दला माओवाद्यांचे तिरुपतीपासून पशुपतिनाथपर्यंत रेड कॉरिडॉराचे स्वप्न पुरायपणांन उद्ध्वस्त करतली अशें तांणी सांगलें. ओडिशा, छत्तीसगड आणि तेलंगणा यासारख्या राज्यांनि नक्षलविरोधी कारवायांनि CISFच्या योगदानाचे तांणी कौतुक केले. देशांतल्या उद्देगीक मुळाव्या साधनसुविधांची राखण करपाक CISF म्हत्वाची भुमिका आसता आनी सध्या देशभरांतल्या 70 विमानतळांक आनी 361 म्हत्वाच्या प्रकल्पां सुरक्षा दिता अशें केंद्रीय गृहमंत्र्यांनी सांगलें

Gadkari – 60

इंधन आयातीचेर भारताचें अवलंबन उणें करपाक आनी देशाक उर्जेच्या बाबतींत आत्मनिर्भर करपाक बायोगॅस हो सगळ्यांत बरो पर्याय अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें. पुण्यांतल्या यशवंतराव चव्हाण विकास प्रशासन अकादमीत आयोजित कंप्रेस्ड बायोगॅस कॉन्क्लेव्ह 2026 च्या उक्तावण सुवाळ्यांत ते उलयताले.

Rajnath – 80

अनिश्चिततेच्या सध्याच्या युगात प्रासंगीक आनी सज्ज रावपाक आत्मनिर्भरताय हो एकूच मार्ग आसा अशें संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हाणी सांगलें. अस्तंत बंगालांतल्या कोलकाता शारांत आयोजित “सागर संकल्प - Reclaiming इंडियाज मॅरिटाइम ग्लोरी” या संरक्षण आणि सागरी संवाद कार्यक्रमाचे उक्तावण केल्या उपरांत ते उलयताले.

Prez – 25

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज पश्चिम बंगालाटल्या दार्जिलिंगच्या एकादिसाच्या भोंवडेर वतल्यो. आपल्या या भेटीवेळार राष्ट्रपती आंतरराष्ट्री संथाल कौन्सिलतर्फे आयोजित ९व्या आंतरराष्ट्रीय संथाल परिषदेक उपस्थित रावातल्यो.

NCW – 90

राष्ट्रीय महिला आयोगान (NCW) तांच्या मुखेल कार्यक्रम "राष्ट्रीय महिला आयोग आपके द्वार " अंतर्गत खाला, 8 मार्च 2026 सावन देशभरांत राष्ट्रव्यापी महिला जन सुनवाई घडोवन हाडपाची घोशणा केल्या. बायलांच्यो कागाळी आयकुन तांचे बेगोबेग निवारण सुनिश्चीत करप हो ताजो उद्धिष्ट आसा. नवी दिल्लीत पत्रकार परिषदेत उलयतना NCW अध्यक्ष Vijaya Rahatkar हाणी सांगले, आठवडाभर चलपी महिला जन सुनवाई कार्यावळ राज्य महिला आयोगांच्या सहकार्यान जातली. अध्यक्षांनी नमूद केले की ही कार्यावळ देशभरांतल्या 25 राज्यांनी आनी केंद्रशासित प्रदेशांतल्या सुमार 500 जिल्हयांनी जातली आनी बायलां खातीर ही एक व्हड समन्वयीत भौशीक तक्रार निवारण उपक्रमांपैकी एक थारतली.

Rail – 30

भारतीय रेल्वेन फाटल्या दशकांत विद्युतीकरणात अभूतपूर्व गती मेळयल्या. हाका लागून आयात केल्ल्या डिझेलाचेर देशाचें अवलंबन खूब उणें जालां. ताका लागून ब्रॉडगेज रेल्वे नेटवर्कच्या ९९.४ टक्के भागाचो आता विद्युतीकरण जाला.

Fit India – 45

फिट इंडिया कार्निवालाची दुसरी आवृत्ती आयतारा सावन नवी दिल्लीच्या जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत सुरू जातली. आंतरराष्ट्रीय महिला दीस 2026 निमित्त्यानं ही कार्यावळ घडोवन हाडल्या. हो कार्निवाल ८, ९ आणि १० मार्चक Major Dhyan Chand Stadium त ६४व्या फिट इंडिया संडे ऑन सायकल कार्यक्रमा उपरांत सुरू जातलो.

US Iran – 100

अस्तंत आशियांतल्या संघर्शाचो आयज आठवो दिस. अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी इराणा कडेन कसलीच समजिकाय करपाक न्हयकार दिलो आनी इराणाक बिनशर्त आत्मसमर्पण करपाचे आवाहन केला. अमेरिका आनी ताचे इश्ट देश इराणान शरण येवपाक मान्यताय दिल्या उपरांत ताची आर्थिकदृष्ट्या पुनर्बांधणी करपाक मदत करतले अशें ट्रम्प हांणी सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत सांगलां.

अमेरिका इराणच्या हवाई क्षेत्राचेर नियंत्रण दवरपाचे दिशेन प्रगती करता आनी चार ते स आठवड्यांत हे ध्येय साध्य करपाची आशा आसा अशें व्हाइट हाऊसाची प्रेस सचीव कॅरोलीन लीविट हांणी पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें

अमेरिका आनी इस्रायल बरोबरच्या संघर्षाच्या फाटभुयेर काय देशांनी मध्यस्थीचे प्रयत्न सुरु केल्या अशे इरानचे राष्ट्रपती Masoud Pezeshkian हाणी म्हळां.

Badminton – 25

इंग्लैंड ओपन बैडमिंटन चैंपियनशिपात काल राती लक्ष्य सेनान क्वार्टरफाइनलीत चीनाच्या के ली शी फेंग हाका 21-13, 21-16 अशे हारोवन दादल्यांच्या एकोडी गटांत सेमीफाइनलित पावल घाले.

Cricket – 50

आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 क्रिकेट सवसरीक करंड सर्तीच्या फायनलींत फाल्यां सांजवेळा भारत आनी न्यूझीलंड हांचे मदीं खेळ जातलो. अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर ही मॅच सांजवेळा 7 वरांचेर सुरू जातली.